Panaji national 5 july 2025 at 6.30 pm

आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा राष्ट्रीय खबरो दिता

Dhankar 30

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड फाल्या सावन केरळच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आसात. सोमारा, उपराष्ट्रपती त्रिशूर जिल्ह्यातल्या गुरुवायूर मंदिरात प्रार्थना करतले. उपरांत ते कोचीत राष्ट्रीय प्रगत कायदेशीर अभ्यास विद्यापीठ (NUALS) च्या विद्यार्थी आणि प्राध्यापकांकडे संवाद साधतले.

Pm GLOBAL SOUTH  70

त्रिनिदाद आणि टोबॅगोची यशस्वी भोवंडी सोपयले उपरांत, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी ग्लोबल साउथाकडे भारताचे संबंध अधिक दृढ करपाच्या उद्देशान पाच देशांच्या दौऱ्याच्या तिसऱ्या टप्प्यात आज सकाळी अर्जेंटिनाची राजधानी ब्युनोस आयर्स हांगा पावले. तांका भारतीय समुदायान खासा शास्त्रीय नृत्य सादरीकरणान तांका येवकार दिलो. अर्जेंटिनाचे आदरणीय स्वातंत्र्यसैनिक आणि राष्ट्रीय नायक जनरल जोसे डी सॅन मार्टिन यांच्या पुतळयाक आदरांजली ओपून दोनुय देशांमदली धोरणात्मक भागीदारी अधिक मजबूत करपाक  आणि सहकार्याचे नवीन मार्ग उघडपाक प्रतिनिधीमंडळ स्तराचेर चर्चा करतले.

PM BRAZIL 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या ६ आनी ७ तारखेक ब्राझीलांतल्या रिओ द जानैरु हांगा जावपी ब्रिक्स शिखर परिषदेंत वांटो घेतले  आनी उपरांत ब्राझीलियाक द्विपक्षीय भेट दितले — सुमार स दशकां उपरांत भारतीय प्रधानमंत्र्यांची हि  पयली भेट आसतली .

ह्या भेटी वेळार मोदी ब्राझीलाचे राष्ट्राध्यक्ष  अध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा आणि हेर जायत्या जागतीक फुडाऱ्यां वांगडा चर्चा करतले

GOYAL 70

वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी म्हळा की भारत स्वतःच्या अटींचेर व्यापार कबलातीचेर चर्चा करता आणि केन्नाय वेळेर आधारित व्यापार कबलात करना अमेरिकेवांगडच्या व्यापार कबलानीबद्दल नवी दिल्लीत माध्यमांकडे उलयताना मंत्र्यान म्हणले की मुक्त व्यापार कबलात तेन्नाच जाता जेन्ना  परस्पर फायद्याची असता. त्यांनी अशेय म्हणले की व्यापार कबलात पूरायपणान परिपक्क आणि राष्ट्रीय हिताची आसली तेन्नाच देश स्वीकारता.  गोयल हाणी म्हणले की अमेरिका, युरोप आणि न्यूझीलंड सयत वेगवेगळयां देशांवांगडा कबलातीखातीर वाटाघाटी सुरू आसात.

SHAH 20

देशातल्या करोडांनी गरीब आनी ग्रामिण जनतेच्या आर्थिक समृद्धी खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सहकार मंत्रालयाची थापणुक करपाचे थारायला हेविशी अमित शाह हाणी म्हळे

Nia 45

राष्ट्रीय तपास संस्थ(एनआयए)न भारतातल्यान अमेरिका आणि हेर देशांत बेकायदेशीर मानवी तस्करी करपी दोगांक अटक केल्या. हिमाचल प्रदेश आणि दिल्लीत दोन सुवातीनी छापे घाले उपरांत आरोपींक अटक केली

BIS 50

ग्राहक व्यवहार विभाग आणि भारतीय मानक ब्युरो (BIS) न देशभरातल्या गिरायकांक फक्त BIS-प्रमाणित हेल्मेट वापरपाचे आवाहन केला. विभागान BIS प्रमाणपत्राशिवाय हेल्मेटचे उत्पादन वा विक्री करपाआड कठोर अंमलबजावणी करपाचे आवाहन केला. ग्राहक व्यवहार विभागान आपल्या निवेदनात म्हणला की, फाटल्या आर्थिक वर्षात BIS न BIS मानक चिन्हाचो गैरवापर केल्याबद्दल 30 परस चड सोद घेतिल्लो आणि जप्तीची कारवाय केली.

SPORTS 35

बॅडमिंटनात भारताच्या किदाम्बी श्रीकांतान कॅनडा ओपन सुपर ३०० बॅडमिंटन सर्तीच्या एकोडीच्या उपांत्य फेरयेत प्रवेश करून आपली मजबूत धांव सुरू दवरल्या. ताणे अव्वल मानांकित आणि जागतिक क्रमवारीत ६ व्या सुवातेर आशिल्या चायनीज तैपेईच्या चाउ तिएन चेनाक harovn जैत मेळयले

IMD 100

भारतीय हवामान विभाग (IMD)न आज मध्य प्रदेशात अतिवृष्टीचो रेड अलर्ट जारी केला . मुखावेल्या तीन दिसांत मध्य, उत्तर आणि पूर्व भारतात काय वाठारांनी दडकांनी ते अति दडकांनी पावसाची शिटकावणी दिल्या. भारतीय हवामान खात्या प्रमाण, या महिन्याच्या ८ तारखे मेरेन कोकण आणि गोवा, महाराष्ट्र, आसाम, मेघालय, छत्तीसगड, पूर्व राजस्थान, पश्चिम बंगाल, गुजरात, झारखंड आणि उत्तराखंडात काय सुवातीनी दडकांनी ते अति दडकांनी पावसाची शिटकावणी दिल्या

**नमस्कार**